**अनुकंपा तत्वाचेर नेमणूक जाल्ल्यांक शिफारसपत्रां भेटयलीं**

ता. 23 ऑगस्ट 2021

आयज सचिवालयांत आयोजीत उपचारीक कार्यक्रमात सरकारान कार्मिक खात्यामार्फत ९२ लावधारकांक सरकारी नोकऱ्यांच्यो शिफारस ऑर्डरी भेटयल्यो. सरकारी खात्यांनी सेवा करतना मरण आयिल्ल्या कर्मचाऱ्यांच्या अवलंबीत कुटुंबीयांच्या हिताखातीर सरकारान अंमलबजावणी केल्ल्या सामाजीक सुरक्षा येवजणेखाला ही नेमणूकपत्रां भेटयल्या. शिक्षणिक पात्रताय, राखीवता आनी हेर गजाली विचारात घेवन उपलब्ध जाग्यांप्रमाण ह्यो नेमणूको केल्यात.

राज्यांतल्या धा हजार युवकांक नोकऱ्यों दिवपाचो सरकाराचो विचार आसून सरकारान त्या दिकेन आवश्यक पावलां मारल्यात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. सरकारी सेवा करतना मरण येवपी कर्मचाऱ्यांच्या अवलंबीत कुटुंबीयांक मदत करप हो सरकारच्या जबाबदारीचो एक भाग म्हुण सरकारान ह्या सामाजीक सुरक्षा येवजणेची अंमलबजावणी केल्ल्या.

ह्या येवजणेतल्या उत्पन्न मर्यादेच्या नेमात दुरूस्ती करून 'क' वर्गातल्या कर्मचाऱ्यांक ह्या येवजणेचो फायदो करून दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा. दोनीय पालकांक मरण येवप्यांच्या भुरग्यांक 18 ते 21 वर्सां पिराय आनी शिक्षण पुर्ण जातकीर सरकारी नोकरी मेळपाची ह्या येवजणेत तजविज आसा, अशें तांणी सांगले.

अनुकंपा येवजणेखाला नोकरी मेळिल्ल्या लावधारकांनी आपल्या कुटुंबीयांक विसरचे न्हय तशेंच आपली नेमणूक जाल्ल्यां विभागांनी प्रामाणिक आनी समर्पितपणान सेवा करची, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

कार्मिक खात्याच्यो जोड सचीव श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांणी येवजणेची म्हायती दिली आनी उद्देश सांगलो.

कार्मिक खात्याच्यो विशेश सचीव श्रीमती अंकीता आनंद आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

आरती पुरख्यास्था हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/719

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji